28th March 2026 आकाशवाणी पणजीच्या 7.25am

पीएम सीएम मीट -

अस्तंत आशियांतल्या गेर्राच्या फांटभुयेर, भारताच्या परिस्थितीचो नियाळ घेवपा खातीर, प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी केंद्रीय मंत्री, मंत्रीमंडळ सचीव, आनी सगळया राज्यांचे आनी केंद्र शासित प्रदेशांचे मुख्यमंत्र्यांवांगडा काल video conferencing वरवीं बसका घेतली. उर्जा सुरक्षेची राखण करपाक, पुरवण साखळी स्थीर करपाक, आनी नागरिकांचें हितसंबंद राखपाक गरजेचीं सगळीं पावलां उबारतात, हाची खात्री करून प्रधानमंत्री मोदी हांणी “टीम इंडिया” ची भावना आमच्या सगळयांत उरल्या हाचेर भर दिलो, अशें मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी बसके उपरांत सांगलें.

CM (Rashmi) – 135

भारतीय न्याय संहिता ,भारतीय नागरिक सुरक्षा संहिता आनी भारतीय साक्ष्य अधिनियम हे तीन नवे कायदे, भारत सरकारान चालीक लायल्या उपरांत, बरेचश्या कायदेशीर प्रकरणांचे निकाल दिवपाचे काम फास्ट्रेक जाला, अशे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी म्हणला. कला अकादमीत आयोजित ह्या प्रदर्शनाक मुखेलमंत्री प्रमोद सावंत हांणी भेट दिवन काल पळोवणी केली. भारतीय न्याय संहिता कायदो येस्सवीरित्या चालीक लावपी, गोंय हे पयले राज्य म्हण गोंय पुलिशेची मुखेलमंत्र्यानी तोखणाय केली. हे तीन नवे कायदे कशा पध्दतीन कार्यरत जातले, हाची नागरीकांक म्हायती दिवपी हे प्रदर्शन आसा. हे प्रदर्शन सर्वसामान्याखातीर उक्ते आसा. वेर्णा हांगसल्ले फोरेन्सिक लॅबाचे उक्तावण रोखडेच जावपाचे आसा, अशेय ह्यावेळार मुखेलमंत्र्यान सांगले.

पेट्रोलाचे मेकळे विक्रीचेर जिल्लोधिकाऱ्या कडल्यान बंदी -

पेट्रोल आणि डिझेलच्या उणावाची अफवा पातळ्ळया उपरांत, लोकांनी भियोन, डब्यांनी आनी बॅरलांत पेट्रोल आणि डिझेल भरपाक सुरवात केल्ल्याचे दिसून आयिल्ल्यान, दक्षिण आनी कुशावती जिल्ह्यांच्यो जिल्होधिकारी एगना क्लिटस हाणी, अशे तरेन इंधनाची मेकळी विक्री करपाचेर बंदी घाल्या. हे संबंदी तांणी आदेश जारी केला.

फोंडा विधानसभा जाण -

वेंचणूक आयोगान फोंडा विधानसभा पोटवेंचणूकेंत ८५ वर्सां आनी वयले पिरायेच्या मतदाराखातीर घरांतल्यान मतदान करपाची खासा सुविधा दिल्या. २९ मार्च ते ३१ मार्च मेरेन वेंचणूक पंगड घरांकडेन येवन, ह्या मतदाराकडच्यान मतदान करून घेतलो, अशें वेंचणूक आयोगान कळीत केलां.

Rashmi – 70

पणजी म्हापालीकेचे महापौर पदाखातीर रोहीत मोन्सेरात आनी उप - महापौर पदाखातीर वसंत अग्शिकार हांणी उमेदवारी दाखल केल्या. ह्या दोनूय पदांखातीर वेंचणूक 30 मार्चाक, सकाळीं 11 वरांचेर जातली. फुडारात जावपी विधानसभा वेंचणुक लढोवपाची इत्सा आशिल्ल्यान, पणजी म्हापालिकेचेर महापौर म्हण निवड जाली जाल्यार, आपल्या पदाचो कार्यकाळ थोड्याच काळा खातीर आसतलो,  अशें रोहित मोन्सराते हांणी सांगलें. पणजीच्या उदरगतीचेर आनी वेंचणुकेच्या प्रचारांत दिल्ली आश्वासना पुराय करपाचेर आपलें लक्ष आसतलें, अशें तांणी म्हळा.

IPL –  60

बीसीसीआय न  इंडियन प्रीमियर लीग (IPL) २०२६च्या दुसऱ्या टप्प्याचे वेळापत्रक जाहीर केला. 'प्ले-ऑफ्स'च्या सुवातीं विशीची सविस्तर माहिती उपरांत दितले.   दुसऱ्या टप्प्याची सुरवात, सनरायझर्स हैदराबाद आनी राजस्थान रॉयल्स ह्या पंगडां मदले मॅची वरवीं जातली. IPLच्या पयल्या पावडयाची सुरवात, आयज जातली. बेंगळुरूच्या एम चिन्नास्वामी स्टेडियमांर, डिफेंडिंग चॅम्पियन रॉयल चॅलेंजर्स बेंगळुरू आनी सनरायजर्स हैदराबाद हांचे मदीं खेळ जातलो.

वेदर  - 20

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण, राज्यात चडान चड तापमान 35.4 अंश सेल्सियस आणि उण्यात उणे तापमान 26.4 अंश सेल्सियस इतले नोंद जाला.

आणि इतल्यान ह्यो प्रादेशिक खबरो सोपल्यो.